राष्ट्रीय खबरो

आकाशवाणी पणजीच्या

Date : 19/02/2026 6.30 PM

४०/४०

भारत फकत नवे तंत्रगिन्यान विकसीत करीना पूण ते वेगान आपणायता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. भारत हें संवसारांतलें सगळ्यांत व्हडलें तंत्रगिन्यानाचें केंद्र आसा. नवी दिल्लींत एआय इम्पॅक्ट समिट जावप ही भारत आनी ग्लोबल साउथ खातीर अभिमानाची गजाल अशें तांणी सांगलें.

BYTES

मजगती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी भारत एआय इम्पॅक्ट समितात वाटो घेतलो. शाश्वत उदरगत करतना गौंयात एआयच्या तंत्रगिन्यानाचो समग्र पद्दतीन आत्मसात आनी उपेग करपाची मोख गोंय सरकारान दवरला अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

३०

संवसारीक फुडाऱ्यांक शिखर सभेक येवकार दितना केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें की सरकारान एक समान संगणन प्लॅटफॉर्म तयार केला आनी सरकार एआय स्टॅकाच्या पांचूय थरांर काम करता. BYTES

१०/३५

एआय सगळ्यां खातीर आसूंक जाय अशें संयुक्त राश्ट्रांचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेसान हाणी सांगलें.

एआयचो फुडार थोड्याच देशांक थारावंक मेळना अशें तांणी सांगलें. विकसनशील देशांतल्या मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास करपा खातीर एआयचेर जागतीक निधी तयार करपाचो उलो ताणी मारलो.

आल्फाबेटाचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी सुंदर पिचाई हांणी एआय हें आमच्या जिवितांतलें सगळ्यांत व्हडलें रुपांतर अशें वर्णन केलां.

४०

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हाणी इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिटांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केल्ल्या भाशणांतल्यान एआय कडेन भारताची दृश्टीकोन आनी जापसालदारकी दिसून येता अशें सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत उपराष्ट्रपती हांणी म्हणलां की, मानवतायेखातिर प्रधानमंत्र्याचो दृष्टिकोन मानवटेक तत्रिक उदरगतीच्या केंद्रस्थानी दवरता. नवनिर्माण, समावेशकता आनी नैतीक शासनाच्या आदारान एआय मळार भारताची प्रगती ह्या परिवर्तनकारी तंत्रगिन्यानाचो फुडार घडोवपाक देशाक संवसारीक फुडारी म्हूण स्थापन करता अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय कोळसो आनी पेट्रोलियम मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी आयज संवसारीक अर्थवेवस्थेक आकार दिवपाक म्हत्वाच्या खनिजांचें वाडत वचपी म्हत्व अधोरेखित केले. म्हत्वाची खनिजां ही सौर उर्जा, लिथियम आनी तांब्या आदारीत तंत्रगिन्यानाची बुन्याद आसा अशें तांणी नवी दिल्लींत जाल्ल्या "इंडियन क्रिटिकल मिनरल्स सीनॅरिओ: फाउंडेशन्स ऑफ अ सस्टेनेबल फ्युचर" हे परिशदेचे दुसरे आवृत्तींत सांगलें.

बिहार आतां पुरायपणान नक्सल मुक्त जाला अशे  मुंगेराचे पुलीस उपमहानिरीक्षक राकेश कुमार हांणी सांगलें. BYTES

राज्यांतलो निमाणो सशस्त्र माओवादी सुरेश कोडा हाणी आयज मुंगेरांत आत्मसमर्पण केले. राज्यांतल्या आदीं नक्सल बादिद 23 जिल्ह्यांनी आतां सशस्त्र नक्सल पंगड सक्रीय नात.

संरक्षण संशोधन आनी उदरगत संघटणेन (डीआरडीओ) चंडीगढांतल्या गगनियान कार्यावळी खातीर ड्रोन पॅराशूटाची पात्रताय भार चांचणी येसस्वीपणान केली. ह्या चांचणेंत पॅराशूटाची चडांत चड उड्डाण भारापरस चड भार घालून ताची तांक आनी विस्वासाची चांचणी केल्या अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. मजगती संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी हे खातीर डीआरडीओ आनी इसरोक परबीं दिली आनी ही यशस्वी चांचणी आत्मनिर्भर भारताची नदर मुखार व्हरपा खातीर आनीक एक म्हत्वाचें पावल आसा अशें सांगलें.

हवामान २०

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत नेटाचे वारे व्हावपाचो अदमास उक्तायला.तशेच सोमारा मेरेन वायव्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी चडांत चड तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .

स्पोर्ट्स ४०

आयसीसी टी-20 क्रिकेट विश्वचषकाची सुपर 8 स्टेज सोंपल्या. पयल्या गटांत भारत, दक्षिण आफ्रिका, वेस्ट इंडीज आनी झिंबाब्वे, जाल्यार दुसर् या गटांत इंग्लंड, न्यूझीलंड, पाकिस्तान आनी श्रीलंका हांचो आस्पाव जाता. शेनवारसावन सुरू जावपी सेमी फायनलींत सुवात मेळोवपा खातीर हे आठ पंगड खेळटले.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर -